मन सांवर

ायना आडारकार

શ્રી. ગોકુળદાસ પ્રભૂ હાંકા,
માયેમોગાન
નયના

मन सांवर

नयना आडारकार

ॐ श्री दत्त पद्जा प्रकाशन

शणै गोंयबाब महोत्सवाचें अस्मिताय वर्स

मन सांवर	**Man Sanvar**
(कविता संग्रह)	(Collection of Poems)
श्रीमती नयना आडारकार	Smt. Nayana Adarkar
प्रकाशन क्र.: २५	**PUBLICATION NO.:25**
© श्रीमती नयना नंदकिशोर आडारकार	**© Smt. Nayana N. Adarkar**
पयली उजवाडावणी : १० मे २००३ १६ वें अ.भा.कों.सा.संमेलन, वास्को.	**FIRST EDITION:** 10 May 2003
उजवाडावपी : श्री. मिलींद कमलाकर म्हाळशी ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन, श्रीस्थळ, काणकोण, गोंय	**PUBLISHER :** Shri Milind Kamalakar Mhalshi Om Shri Datt Padmaja Prakashan Shristhal, Canacona, Goa
छापपी : नवादित्य पॅकेजिंग्स, माशेल, गोंय	**PRINTER :** Navaditya Packagings, Marcela, Goa
मुखचित्र : निलांगी फडते	**COVER :** Nilangi Phadte
मोल : ७५ रुपया	**PRICE RS. 75/-**

तुजो कवितासंग्रह येवंकूच जाय

असो आग्रो धरपी

आनी कवितासंग्रहाक प्रस्तावना बरोवपी

कवी श्री. माधव बोरकार

हांकां

आनी

फाटीचो कणो मोडलो अशें दिसता आसतना

धिगी लावन आदार दिवपी

म्हजी इश्टीण

माया अनिल खरंगटे

हांकां

मायेमोगान.

- नयना नंदकिशोर आडारकार

काळजाची उमळ

कांय वर्सां आदीं कोंकणीत हातांच्या बोटांर मेजपाच्यो लेगीत न्हय इतल्यो कवयित्री आशिल्ल्यो. हातुंतल्यो विजयाबाय सरमळकार आनी निला तेलंग हांणी कांय बऱ्यांतल्यो बऱ्यो अश्यो कविता बरयल्यो. आनीक एक नांव आठवता तें रजनी बोडके हांचें. १९६९ च्या अदमासाक तांच्यो कविता कवितांच्या सर्तीनी तशेंच त्या वेळार भरपी कवीसंमेलनानी दिसतालें. पूण कालांतरान हें नांव आयकूंक येना जालें. विजयबायलो 'गोठलां' हो एकलो एकसुरो कविता संग्रह प्रसिध्द जालो आनी ते उप्रांतच्यो कविता संग्रहाच्या रुपान येवपाच्यो आसात. निला तेलंगाच्यो कविता आजूय नेमाळ्यांनी दिसतात. पूण १९८० उप्रांत कांय नवे पिळगेंतल्यो कवयित्री मात नेमान बरयतना दिसतात. तांतल्या कांय जाणांचे संग्रह प्रसिध्द जाल्ले आसात आनी तांच्यो नव्यो कविताय वाचूंक मेळटात ही म्हत्वाची गजाल. तशेंच आदल्या कवयित्रींचे कवितांचे विशय घरगुती आसताले. पूण नवे पिळगेन नव्यो जाणविकायो आपल्या कवितांनी केळयल्ल्यो दिसतात. बायलांक लागींचे आशिल्ले प्रस्न न्हय तर कांय बाबतींत ती स्त्रीवादाकडेनूय लकिल्ली दिसता. नूतन साखरदांडे, माया खरंगटे, सोनिया डिकॉस्ता हांणी रचिल्ली कविता संख्येन आनी गुणान म्हत्वाची आसा.

हेच प्रभावळींतलें एक म्हत्वाचें नांव नयना आडारकार. फाटली पंदरा वीस वर्सां त्यो नेमान कविता बरयतात. तशेंच कथा आनी गद्य लेखनूय तांणी केलां. 'प्रतिमा' हो तांगेलो पयलो कविता संग्रह १९८९ वर्सा प्रसिध्द जालो. आतां तांचो दुसरो उजवाडा येता. फाटल्या चवदा वर्सांतलो तांचो कवितेचो प्रवास ह्या संग्रहांत दिसले बगर रावना. 'प्रतिमा' हो तांचो संग्रह वाचतना तांचे कवितेची प्रकृती आनी सभाव लक्षांत येता. तांगेली कविता ही बरीचशी व्यक्तिनिष्ठ आसली तरी तिका समाज जिणेचें भान आसा म्हणपाचें कळटा. विनाश करपी ॲटमबॉम्बची कविता बरयतना ती ' एक कळी फांत्यापारार/ दंवा पावसान न्हाली/ पाकळेन पाकळी तृप्त जाली/ जाली चिंब ओली/ ओलेती तिका सुर्यान देखली/ पाकळेन पाकळी करीत मेकळी (प्रतिमा पा. ३५) अश्यो तरल भावना व्यक्त करता. खरें म्हळयार ह्यो परस्पर विरोधी अश्यो भावना आडारकाराले कवितेंत सहज आनी समर्थपणान येतात. हो तिजो खाशेलो असो सभावधर्म आसा अशें म्हळयार जाता.

आडारकाराली कविता सभावान एके बायलेची कविता आसा. ती कवयित्री आसा म्हूण न्हय, तर ती स्त्रीत्वाकडेन लग्गीक आसा म्हूण. बायलेच्या मनाच्यो व्यथा, तिज्यो सूक्ष्म, तरल भावना तिजे कवितेंतल्यान पडबिंबीत जातात. एक आवय, एक

मोगिका... वेगवेगळ्या रुपांनी ती दिसता. 'हांव कोण?' हे कवितेंत ती म्हणटा:

हांव खामसुत्री बावली
काय कोणाची सावली
धाग्या धाग्यांनी नातें जोडपी
नात्या फाटीं - फुडें धांवपी
हांव, हांव केन्नाच आसना
हांव आसतां कोणाची धूव
कोणाची सून

अशे तरेन एक बायल म्हूण वांट्याक आयिल्ले नात्याचे वेगवेगळे रिणानुबंध ती दाखयता. हांव कोण? ह्या प्रस्नान तिज्या अस्तित्वाक व्यापून उडयलां. मोगाची तरल भावना 'गुलमोहोर' हे कवितेंत व्यक्त जाता.

प्रियेच्या मोगस्पर्शान
चंवरिल्ली प्रेमिकाशी
फुलारून आयिल्लो हो
गुलमोहोर देखतांच
ताचे पयले भेटीच्या
म्होंवाळ यादींनी
शिरंतरां शिरशिरतात

ही तरल भावना अदीक खोल जाता 'धर्तर' हे कवितेंत. मानवीकरणाच्या रुपांतल्यान ती येता.

शिर्वाणाचे मदमस्त वेंगेंत
ती ल्हवूच विसावली
ही धर्तर चिप्प ओली
रतिगंधांत सुखावली.

आडारकाराली कविता निखटी इंद्रिय संवेदनेची कविता न्हय. बायल ह्या नात्यान तिज्या वांट्याक आयिल्ल्या आवयपणाचीय ती कविता आसा. आवयपणाच्या पदाची खोस आसतनाच खोल खंय तरी जाणवपी व्यथेचेंय दर्शन वळीवळींतल्यान घडटा. आवय म्हूण वांट्याक आयिल्ल्या प्राक्तनाचो स्वीकार करतना तिजें कळवळपी मन 'म्हजे धुवे-तीन कविता' हे तीन वांट्यांचे कवितेंतल्यान नियाळटा.

'सांग गो म्हाका आई म्हूण
मारतलें केन्ना उलो

तुजीं उतरां आयकूंक
जीव पिसो
आशेता गो बाये

तिका आपली धूव सृजनाचें प्रतिक दिसता, ती तिज्या रचनांची स्फूर्त जाता, ताजे सुंदरतायेंत जो तो शेणटा असो अणभव येता. पूण हे कवितेक दुख्खाची, व्यथेची देग आसा.

तुका कशें कळचें, म्हज्या काळजाचें
खिणाखिणाक लासप
म्हाका जाय तूं, तुजें तें भावार्थी हांसप

एके तरेचे वेदनेंतल्यान ही कविता स्फुरल्या. तिगेले धुवेक लागुनूच ती आवयपणाच्या पदार बसल्या आनी देखुनूच एक अटळ प्राक्तना भोग वांट्याक आयिल्ल्यान जावंये :

हांव आदिशक्ती हांव माता
कसलो हक्क म्हाका मिरोवंक
हीं आवयपणाचीं फितां
हांवेंच केल्लीं तुका
ह्या जगाचीं दारां उक्तीं
आनी हांवूच मागतां
तुजी वेदनेविरयत मुक्ती

अश्यो काळजाक पिवळ घालपी वळी उमळून येतात. हांगा म्हाका निराला हांची 'सरोज' ही आपले धुवेक उद्देशून बरयल्ली कविता आठवता. आडारकाराली धुवेक उद्देशून बरयल्ली कविता आशयाचे नदरेन 'सरोज' हे कवितेचे लागीं येता.

आडारकाराले कवितेक सामाजिक वास्तवाचें भान आसा. देशांत जाती धर्माचें राजकारण वाडत आसा आनी तातुंतल्यान मनशां मनशांमदीं भेदच्यो वणटी उब्यो जातात हाची खंत ही कविता उक्तायता. आनी अशें करतना ती जरी rhetorical जाली तरी ताजे फाटली भावना आनी उमाळो आसा तो अडेचो दिसना. 'गर्व से कहो' ही एक ताजी देख आसा. हिंदू, मुसलमान, क्रिस्तांव ह्या विंगड विंगड धर्मा परस मनीसपण होच सगल्यांत व्हडलो धर्म हाजेर तांची स्रध्दा आसा. देखून 'घर - घराक/ मोगाचें पाखें/ विश्वासाच्यो वणटी आसूंक जाय अशें तांकां दिसता. देखुनूच 'मनीसपण वांचयात' म्हूण त्यो साद घालतात. बदलपी सामाजिक मुल्यां मनशाक मनशा पासून तोडटात हे गजालीची खंत तांची कविता व्यक्त करता.

म्हजे घरा कुशीक शेजारी

माया ममतेचे पुजारी
उल्याक धांवप
गरजेक पावप
सगळें आतां इतिहासजमा.

काळजाक खोल तोंपपी आनी बदलत वचपी वर्तमानाचें दर्शन घडोवपी ह्यो वर्व आसात.

कांय कडेन ही कविता तरल आनी अल्पाक्षरी जाता. तिका उतरांचो सोंस ना देखून ती उतरांनी शेणून वचना. ताकाच लागून तिज्या आशयाचें निखळ रूप दोळ्य मुखार येता. तिजी निजाची प्रकृती आनी तांका दाखोवपी ही चार वळींची कविता :

उक्त्या मळबाक
दिको धाय
रित्या मनाक
फास्की जाय

जें असीम आनी अव्यक्त आसा तें उतरांनी धरचेलो यत्न फळादीक जावं अः आमी मागुंया.

गुड् फ्रायडे १८ एप्रिल ०३
ग्रीन पीस हाऊ.सोसायटी,
नागाळी, ताळगांव, गोंय
४०३ ००२

- माधव बोरका

मांडावळ

क्र.		पान क्र.
१.	गॉन् विथ् द् विंड्!	११
२.	बंद मूठ	१३
३.	यादींचो पावस	१४
४.	शिर्वाण	१५
५.	अशेंच घडटा	१६
६.	जनेल	१७
७.	यो रे पावसा	१८
८.	पावसा राजा	२०
९.	पावस	२१
१०.	रातराणी	२२
११.	सपनां	२३
१२.	पावस येताच असो	२४
१३.	हांव कोण?	२५
१४.	मळबा, तुजी होटी	२६
१५.	आमी एक	२७
१६.	सगलें आतां इतिहासजमा!	२८
१७.	रस्त्याच्यो कविता	३०
१८.	गुलमोहोर	३४
१९.	पुनवे रात	३५
२०.	खूब खूब जिये रे	३६
२१.	कविता	३७
२२.	आगगाडी	३९
२३.	नातीं	४०
२४.	दुकांचीं पोंवळीं	४१
२५.	रंभा-वसुंधरा	४२
२६.	दसरो	४३
२७.	नकेत्रां	४४
२८.	धर्तर	४५
२९.	म्हजे धुवे - तीन कविता	४६
३०.	जाणां आई ?	४८
३१.	मनीसपण वांचयात	४९
३२.	माती-मळबाचो मोग	५१
३३.	कोणें पळयला व्हय?	५३
३४.	शब्दवळख	५४
३५.	नतमस्तक	५५
३६.	गर्व से कहो	५६
३७.	खीण	५७
३८.	घर	५८
३९.	तूं	५९
४०.	आंगणांतले सोबित रांगोळेर	६०
४१.	नकेत्र तुट्टना	६१
४२.	पोंवळीं	६२
४३.	फास्की	६५
४४.	आवय	६६
४५.	तूं - कवनां	६७
४६.	आटक -माटक	६९
४७.	काळीज कवन	७०
४८.	तुजे नदरेचीं कवनां	७१
४९.	म्हज्या भुरग्यांनो	७२
५०.	पावस	७३
५१.	एक गायड् उलयता	७४
५२.	कविता	७५
५३.	आवय	७६
५४.	यो रे पुता यो	७८
५५.	पेट्टो गीम	७९
५६.	गीम	८०

१. गॉन् विथ् द् विंड् !

स्वातंत्र्य म्हळयार कितें गंध ना
तेन्नासावन आवडटात तांकां झेंडावंदनां
झेंडावंदना उपरान्त मेळटाल्यो चॉकलेटी
आनी मागीर सगलीच सुटी
मागीर केन्नाच उलगलीं वर्सां मोन्यांनी
तांकांय आनी देसाच्या स्वातंत्र्याकूय
आनी अकस्मात
स्वातंत्र्याच्या ह्या भांगरावर्सा
तांकां फुटलो कंठ
आनी मनाक आ.ली उर्बा
तांणी बावट्याक माल्लो सॅलूट
आनी म्हळें, 'जय हिंद !'
तेन्ना वाऱ्यार फडफडपी
बावटो सुस्कारलो
'जय हिंद !' खंयचें पापया?
तें सगलें गॉन् विथ् द् विंड् !
आरे, पन्नास वर्सां उलगलीं
भुंयेन मुक्तीचो श्वास
घेतले उपरान्त
कांयच फरक जाणवलो ना तिका
'त्या बंदिस्त' नी 'ह्या मुक्त गात्रांत'
कांयच फरक जाणवलो ना !
कसलो मुक्तीदीस मनयता?
हांवें पळयल्या
मुक्ती सुर्याच्या उदेन्ती किर्णाक आशेल्ले
ते भिरांकूळ काळखे रातयेदीस
आनी आतां
मुक्ततायेचे मिठयेंत अंदल्ल्या दिसाक
रातयांत नागोवपी सुवार्थाची जीब
कांयच फरक जाणवलो ना!

हांवें पळयला
मांयभुंयेच्या पदराची 'पवित्रताय इबाडपी
त्या परदेसियांचो तो ' आक्त'
आनी भुंयेच्या मिरयांकूच हात घालपी
तिच्याच वसवश्या पोरांचो हो ' फाक्त'
कांयच फरक जाणवलो ना!
हांवें पळयल्या
भुंयमातेची तडफड
जेन्ना आयली तिच्या मुक्त स्वासार बंदी
आनी तिची फडफड
जेन्ना स्वतंत्रतायेक सुरूंग पेटोवपाची
तुमी घेतली संधी
कांयच फरक जाणवलो ना !
तुमी दीस मनयतात
स्वातंत्र्याचे, हुतात्म्यांचे
मेजून मापून
तुमी म्हाकाय हुबयतात
फुलांनी जोखून
ह्या एका दिसाक फुट्टा तुमकां कंठ
आनी वाजयतात तुमी
ह्या सगल्यांच्या नांवांन ताळयो
बाकीच्या दिसांनी
तुमच्या दोळयांक फाळयो
कांयच फरक जाणवलो ना!
आतां कित्याक जिणेक तरासता
म्हणूंक 'जयहिंद'?
ते सगलें आतां
गॉन् विथ् द् विंड् !

❐

२. बंद मूठ

म्हजे बंद मुठींत
म्हजीं झिडपेल्लीं सपनां
तरीय सपनां पळोवचेलीं
मनपिशीं हीं व्यसनां

म्हजे बंद मुठींत
भूत भविष्य लिपलां
वर्तमानाचे मिठींत
अख्खें जिवित गोठलां

म्हजे बंद मुठींत
सुख दुख्खाचीं गा घरां
वत पावसांत न्हातात
दोनूय दोळ्यांची गा दारां

म्हजे बंद मुठीचो मूठभर पसो
आसूं चंद्र जावं सूर्य
म्हज्या मुखामळार हांसो

❐

३. यादींचो पावस

जाणां बाबा,
तेन्नासावन म्हाका पावली उबारूंक येना,
तेन्नासावन तुज्या वात्सल्याच्यो शिर्वाण सरी,
आंगापांगार झेलयत,
कितलेच मीर्ग देखले.
केन्ना रिमझिम, केन्ना उटंगारी,
माये घसघश्यार नाचलीं मना भिरीं,
तेन्नासावन आतांमेरेन
आतां म्हज्या पावलार पावलां दवरीत
कितलींच माणकुलीं पावलां
तुज्या मोगा - पावलांनी
भिज्जूक भिजतालीं
तेन्नासावन आतांमेरेन
सगलें बरेंभशेन
आनी अकस्मात वाऱ्यार हुबत
तुजीं पावशी कुपां पयस शेणलीं,
आतांय मिर्गांत हरशिलो पावस शेनता आनी
त्या पावसांत हांव तुजी माया सासपितां.

४. शिर्वाण

रिमिझिमी शेनता हो
पावस शिर्वाणी
धर्तरेच्या आंगापांगांक
पाचवी जुवानी
मदींच हांसता मदींच फुगता
वोत -पावसा खेळ
धर्तरेच्या शिरंतरांनी
फुलून आयला मेळ

❐

५. अशेंच घडटा

पयल्या पावसांत चिप्प भिजून
रतीगंध केळोवपी माती
आनी मातये कणाकणांत
पेटिल्ल्यो धुपारती
ते दीस केन्नाच उलगले
आतां हो मिर्गूच असो
जाला बेभरवंशी
पावस शेनचे आदींच
हीं पावशी कुपां
वतात वाऱ्याभेटेक

❐

६. जनेल

तुमकां घडग्रे जनेल म्हळयार
फक्त बुराक एके वण्टीक
म्हाका मात जनेल
चैत्यन्याची पणटी

तुज्यान घालूं येता
मळबाक फास्की
जाय तेदी, जाय तशी
आनी पितारूं येतात रंग
जाय तशे
फकत जनेल उक्तें आसल्यार पुरो.

केन्ना केन्ना
काळजाक आयिल्लो ओतो
जावं दुःखाचो
जावं सुखाचो
बंद दाराआड वचूंक फावना...

जनेलां नाशिल्लीं घरां
घुस्मट्टात
आनी उगडटांच दारां
भरकट्टात

कृष्णाच्या तोंडांत यशोदेक
दिसलें अख्खें ब्रह्मांड
म्हाका तशें
उक्त्या जनेलांत दिसता

❒

७. यो रे पावसा

यो रे पावसा यो रे यो
घसघश्यांनी यो
असो भियेता कित्याक?
नवेताल्ल रस्ते हे
व्होळून वचत म्हणून?
नवे न्हय पोन्नेच ते
लोकां दोळ्यांक उदक लावंक
दिलां दामर मारून
तुज्या खुस्तार कांय जायना
घेवनी बाबड्यांक
आपलीं बोल्सां भरून
तांची बोल्सां भरपाखातीर तरी
यो रे पावसा यो रे यो.

यो रे पावसा यो रे यो
घसघश्यांनी यो
असो खरशेता कित्याक?
वर्सावरी त्याच गांवांनी
घसघश्यांनी झड
घरांदारांक हाड बुट्टी
घाल मनशां रड
मंत्रीगण दौऱ्यार मागीर
विमानान वयलेवयर
कोण मेले, कितके मेले
पडलां कोणाक?
टीव्हीर, पेपरार बातमेसयत
हांचेच दितले फोटो व्हड
तांचे काकुळटेक तरी
यो रे पावसा यो रे यो
यो रे पावसा यो रे यो

८. पावसा राजा

मिर्गार पसून धर्तरेची
याद ना तुवें काडली
गंधपिशे मातयेक लेगीत
अशीच तुवें नाडली
पावसा राजा, यो रे बेगीन
जीण तुजेविणें कडली

आस दाखोवन नाच्च जाता
रूप तुजें तें सांवळेंत
न्हंय - वझऱ्याच्या पोशांतलें
उदकूय आटलें
झाडां पेडां वालींचीं रे
मुखामळांय बावलीं
पावसा राजा, यो रे बेगीन
जीण तुजेवीणें कडली

धोल-ताशे विजुल्ले नाचाक
ही वसुंधरा आशेली
शेत-मळे, कुळागरां
तुजेविणें करपलीं
युगा युगांचीं नातीं तुवें
अशीं कित्याक तोडलीं?
पावसा राजा, यो रे बेगीन
जीण तुजेविणें कडली

❐

असो निरशेता कित्याक
झाडां - पेडां विणें बोडकीं
उक्तीं - म्हूण ही रानां
गोंयचो पाचवो सैम
खंय शेणलो कोण जाणां !
अरे वर्साकाठाक जातात हांगा
कितलींच वृक्षरोपणां
झाडां मेलीं फोंड उरले
फुडल्या वर्सा रोयतले
झाडां त्याच फोंडांनी
तांचीं फोंडकुलां भरपाखातीर
यो रे पावसा यो
घसघश्यांनी यो

❐

९. पावस

हो मळबव्यापी पावस
एक जोगी
तो पांगुरता काळी कुपांकफनी
आनी हांगा हिच्या आंगापांगार
वारेल्ली सळसळ उठली

हो आशाढगर्भी पावस
एक मोगी
ताची कुपयाळी मोगा नदर
आनी हांगा हिच्या काळजांत
जोगूल - गडगड

हो कृष्णरंगी पावस
एक भोगी
तो खेळ्ळो रिमझिम रास
आनी हांगा हिच्या आंगाक
घमघम मातयेवास.

❐

१०. रातराणी

दोगूय रातराणयो
आंगभर चंवरून
वाटसुऱ्यांक सुखावपी
पूण
एक फकत परमळ फाकोवपी
एक तन मोलाक दिवपी

❒

११. सपनां

वेंतभर पोटाक खोंट झरोवन कश्टता
आनी भुंयेक फाट तेंकोवन
मळबाक वेंगायत सपनेता
पूण म्हाका पडनात सपनां
पाखां फांकारुन मळबांत उडपी सवण्यांचीं
भेंड हालोवन शिरंतरां तापोवपी राणयांची

म्हज्या सपनांत आसता
सत्याचे भिरांकूळ रुपडें
आनी म्हज्याच अंदल्ल्या भावनांचें
विकळापी हांसप

म्हज्या सपनांत आसनात
निळयाच मळबांतलीं धवींफुल्ल कुपां
जीण फुलोवपी सुय - चंद्राचीं थिकां
म्हजीं सपना सपनांच नासतात मुळांत
ती आसता
वास्तवाच्या हुलपान हुलपल्ली
म्हजे भावनांची कूड
अर्दकुटी जळिल्ली

❐

१२. पावस येताच असो

ताचे वाटेक दोळे लावन
ती भर गिमांत हुलपता
आनी तिच्या आंगापांगार
रसरसून पेट्टा तांबडोच गुलमोहोर
मागीर तो येता
खर्जांत गर्जत, धपकायत - दिपकायत
तिका अळंग विरगळायता आपल्यांत
आनी तिच्या रतिगंधान पिसावल्लेवरी
तो न्हंय - वझऱ्यांतल्यान धांवत सुट्टा.

❐

१३. हांव कोण?

हांव खामसुत्री बावली
काय कोणाची सावली
धाग्या-धाग्यांनी नातें जोडपी
नात्या फाटीं -फुडें धांवपी
हांव, हांव केन्नाच आसना
हांव आसतां कोणाची धूव
कोणाची सून
कोणाची भयण, कोणाची आवय
कोणाची कोण आनी कोणाची कोण!

ह्या कोणा कोणाच्या पारंब्यांनी
म्हजें अस्तित्वूय चिणून उडयलां
आतां हांव एक
संवसार ध्यानस्त वड
आपलीं पाळां मुळां
नात्याचे मातयेंत
चडानचड घट्ट रोमोवपी
पूण केन्नाकेन्नाय
कांय झोटिंगणी वादळां
म्हजें अस्तित्वूच हालयतात झिणझिणातून
मागीर म्हज्यांतल्या 'हावं' ची
खवळी झडटा
आनी मनां पानां-पानांतल्यान उठ्टा
एक जीवघेणी सळसळ
आनी घुमता एक आर्त साद
हांव कोण? हांव कोण?

❒

१४. मळबा, तुजी होटी

मळबा, तुजी होटी
चंद्र-सुर्याची मठी
कुपांचे भंवर अशे
दीस - राती भेटी

मळबा, तुज्या माथ्यांत
नकेत्रांची आटी
केन्ना उमास केन्ना
तुका पुनवेची मिठी

मळबा, तुजें होटयेचें
दान म्हाका दी
उंचाय तुजी गांठपाचो
मान म्हाका दी.

❐

१५. आमी एक

आमी भजुंया सूर्य -चंद्राक
जाच्या उजवाडाचें एकूच माप
आमी तजुंया आमच्या भितरल्या
सुवार्थाचें, विकारांचें पाप.

आमी गाठुंया उंचाय मळबाची
जाचे वेंगेंत येसू -अल्ला - देव
आमी माड्डुंवया मोटवे नदरेन
मनां - मनांत उठिल्लो खेव

आमी पुजुंया, भुंयेक आनी
राखुंया सैमाचें आपलेंपण
मनीस सगले एकूच आनी
एकूच रगता रंग.

❐

१६. सगळें आतां इतिहासजमा!

म्हज्या घरामुखार झाडां
झाडार साबार सवणीं
रान्नीपोल्लांत कुंयणीं
रानांत रोयणी
सगळें आतां इतिहासजमा!

म्हज्या दारांत आंगण
आंगणात रांगोळी
नागपंचमीक पातोळी
काड्टांची दिवाळी
सगळें आतां इतिहासजमा!

म्हज्या घराकुशीक शेजारी
माया ममतेचे पुजारी
उल्याक धांवप
गरजेक पावप
सगळें आतां इतिहासजमा!

आतां फ्लॅटांनी सजल्यांत शारां
शेजरा - शेजरांचीं बंद दारां!
भितर वाझांची बॉन्साय - कॅक्टस
शेजारधर्म मात
जाला आतां इतिहासजमा!

आतां म्हजें घरूय फ्लॅटात गेलां
आनी हांवूय आता फ्लॅट्‌चशें जालां
काळजा कुरकुटांत जपिल्लें
घराचें घरपणूय
जालां आतां इतिहासजमा!

केन्ना केन्ना इतिहासाचीं
पानां परतितना
दोळयांतल्यान घळळ जावपी
दोन दुकांय एकदीस
जातलीं दिसता इतिहासजमा!

❐

१७. रस्त्याच्यो कविता

१. ही सैमसुंदरी मन भुलयता
आनी दोंगर माथ्यार
घाटाघाटांतल्यान
म्हाका आपयता

तिची चाल अशी नागमोडी
काळजार असो डूख सोडी
आंगापांगाक विखार तिचो
भारून उडयता
आनी दोंगरा माथ्यार
घाटाघाटांतल्यान
म्हाका आपयता

तिचे गंधमदान्त पाचवें आंग
तिच्या पानापानांक वेंगायतना
विसरतां हाव देहभान
देंगणा सकयल भिरांकूळ म्हाका भिवयता
आनी दोंगरामाथ्यार
घाटाघाटांतल्यान
म्हाका आपयता.

२. 'नांवांत कितें आसा?
म्हण्टात तांकां म्हणू दी
पूण आमकां मात आतां
कोणूय रस्ताद म्हणपाचो भंय ना
आतां आमकांय आसा नांव
लेखकाचें, कवीचें
पूण आमचे जिणेंत मात
कवित्व आयलेंच ना
आमकां आसात नांवां

फुडाऱ्यांचीं, व्हड मनशांचीं
पूण रुंदाय आमची
आंवळत वता
ती वाडलीच ना
हेरशीं सगळें जशें आसा तशें
तोच कोयर, तीच घाण
पूण तरीय अभिमान आमकां
आमकां आसा आतां नांव

३. गिमाची तप्त कायल
हांवूच जातां सामको ल्हाय
तीं तर माणकुलीं
फाटभर वजें घेवन
बोटभर आयस्क्रूट खावंक
सामकीं घालून घेतात
आनी तांच्या बोटांवेल्यान
हातांच्या कोंपरार येत
म्हजेर टिप - टिप गळपी
थेंब्याथेंब्यांनी
हांवूय मातसो थंडावतां.

४. म्हाका थांवूच लागला
मनशाच्या मनाचो
ताणेंच म्हाका घडयलें
कांट्यांकुट्यांतल्यान
चडणां - मोडणांचेर
जाय तशें घुंवयलें
निर्भयपणान भोंवयलें,
पूण तो मात भिवकुरो
दिसा उजवाडी भोंवता
सांवळी घेवन सांगता
आनी रातचो

घेवन दिव्याचो उजवाड

५. हांव रस्तो रस्ताद
जाल्यारूय,
हांवें कितलें सोंसप
हाका कितें सुमार?
दिसपट्या.
म्हज्या खांची कोनशांनी बलात्कार
कोयरा डब्यांनी अर्भकाचे चित्कार
खंय मारामारी, खंय दादागिरी
खंय खून, खंय आयतारचो बाजार
दिसपट्टयें केन्नाय म्हाका खणप
केन्नाय म्हाका बेणप
जाय तशे मारप म्हजेर खुंटे
आनी घालप म्हजेर माची
केन्ना पदयात्रा केन्ना धरणी
केन्ना राजकर्त्यांचीं सुकीं रडणीं
दिसपट्टे आंगार रगताचे सडे
खिणाखिणाक बोबो
हुयेल्यांनी रडें
आंगार हो भार न्हय थोडो
फोंडाळलां आंग,
मोडलो फाटीकण्या घोडो
हांवें कितलें सोंसप?

६. योगे योगे योगे तूं कुळाराचे वाटे
संवकळीचीं पावलां तुजीं येव म्हजे भेटे

पावलां तुजीं पयलीं वयलीं म्हज्या आंगार भोंवतलीं
म्हज्याच आंगार धांवलीं, पडलीं, लंगडी खेळलेलीं
म्हजे फाटीर गुंड्याचूल, तुवें रांदले शितागोटे
संवकळीचीं पावलां तुजीं येवंदी म्हजे भेटे

जुवानीचो रंग पयलो पोल्यार तुज्या खेळलेलो
आडखळटालीं पावलां तुजीं भरून आयलेलो गळो
हुंवारलीं पावलां जेन्ना गेलीं मोगावोर
संवकळीचीं पावलां तुजीं येवंदी म्हजे भेटे

माते दोळयांनी दुकां जरी, पिता फाट पोशेयी
पावलां तुजीं पयसावतना म्हजें काळीज दाट्टली
सवायशीण जावन येतली आयज तूं कुळाराचे वाटे
संवकळीचीं पावलां तजीं येवंदी म्हजे भेटे

❐

१८. गुलमोहोर

प्रियकराच्या मोगस्पर्शान
चंवरिल्ली प्रेमिकाशी
फुलारून आयिल्लो हो
गुलमोहोर देखतांच
ताचे पयले भेटीच्या
म्होंवाळ यादींनी
शिरंतरां शिरशिरतात.

तप्त वोताची ल्हाय सोंशीत
माथेंभर रगत तांबश्या फुलांचो
पदर ओडिल्लो तो
गुलमोहोर देखतांच दिसता
दुख्खाचे घाय सोंशीत
तोंडार हासो फांकीत उबी
प्रसन्न कुलवंत बायल

विशाळ अंत्राळाखाला
तांबश्या फुलांची कफनी घालून
ध्यानस्त बशिल्लो रुशीसो
हो गुलमोहोर देखतांच
म्हज्या गात्रागात्राक लागता
भगवंताची आत्मानंदी ओड

❐

१९. पुनवे रात

१. पुनवे रातीं मळब
लख्ख न्हावन धुवन
चान्नया सुंदरी
कपलार वाटकुळोच
चंद्र तिबो आनी
शिंगार नकेत्री
नकळटना ओंठ मुडपून
मळब अशें हांसलें
धर्तरेच्या आंगापांगार
सळळ चान्नें शिंपलें

२. नकेत्रांची माळून फांती
एक रात पिशी
चंद्रिमाक रावली तेळीत
लिपून कुपांकुशीक
मुरगट्टना आपलेभितर
भान तिचें सुटलें
नकेत्रांची तुटून फांती
आंगार चान्ने शिंपलें
फांतोडेर चंद्रिमाची
व्होंट उजवाडावीण रिती
आनी रात मात विरगळून
गेली दिसा भेटी!

❒

२०. खूब खूब जिये रे

म्हजें सूख सगलें मेळचें तुका
म्हजी जीण सगली ओंपली तुका
जुग जुग जिये रे बाबुल्या
खूब खूब जिये रे

म्हज्या दुदाची राख लज
मायेन सगलें जीख जग
तुजी सांवली जावन उर्बा
दिवलें तुका
जुग जुग जिये रे

समिंदराची खोलाय तुज्यांत
मळबाची उंचाय तुज्यांत
तूं हिरण्यगर्भ धर्तरेचो
जुग जुग जिये रे

❐

२१. कविता

सदांच उदेता सूर्या पळय
मनांत उमेदीचीं किर्णां खेळय
तुजे जिणेचीं सपनां फळय
पथिका, सर मुखार, सर मुखार
सर मुखार उजू मार्गार

कांटे जरी मार्गार तुज्या
तुकाच वेंचचे पडटले
फुलां वेचूंक जाय जाल्यार
तुकाच झटचें पडटलें
मार्ग उजू आसल्यार
सुखार सूख भेट्टलें
पथिका, सर मुखार, सर मुखार
सर मुखार उजू मार्गार

मार पावली तूंच पयलीं
तूंच उबार गुडी
तूंच पेटय तूंच दाखय
उजवाडाच्यो चुडी
मार्ग उजू आसल्यार
तूं जैतूच जैत जोडी
पथिका, सर मुखार, सर मुखार
सर मुखार, उजू मार्गार.

जैत जरी आसलें पयस
तुज्या जैताची दिका थारय
कितलींय मोडां आयलीं तरी
तुज्याच मार्गार पावलां उडय
मार्ग उजू आसल्यार

जैत तुजेंच जातलें पळय
पथिका, सर मुखार, सर मुखार
सर मुखार उज्जू मार्गार

❑

२२. आगगाडी

तिच्यांत भरसल्लीं असंख्य तनां
आनी तनां- मनां-मनांत भरसल्लीं
असंख्य सुख दुख्खां
आयकतां आयकतां फुट्टात
तिच्या काळजांतल्यान हुंकार
आनी ती कुंकारता
कूऽऽ कूक् झूक् - झूक् - झूक्
ह्या आवर्तना तालार
ती तालबद्ध धांवता
पेण्यापेण्यार भारावल्ल्या मनांची
थारावल्ल्या तनांची
बेरीज वजाबाकी करीत
निमण्या पेण्यामेरेन

❐

२३. नातीं

हे नात्याचे पास कसले आसतात काय?
केन्ना वादळ उटंगारी केन्ना रिमझिम पावस

नातीं अशीं काळां जोडी
नातीं भेदभाव तोडी
नातीं नात तर भर दर्यांत
तारया बगर होडीं
हे नात्याचे पास कसले आसतात काय?
केन्ना उंचबळ दर्या केन्ना खोल थीर बांय

नातीं अशीं गोफ कशीं
माये धाग्यांनी घुस्पतात
उतरांनी काळजां तोडल्यार नातीं
खिणांत अशीं फाफसतात
हे नात्याचे पास कसले आसतात काय?
केन्ना वडाचीं मुळां, केन्ना दुदावयली साय

सुर्याचें तेज नात्याक
नात्याक चंद्राची शितळसाण
मानिल्ली जावं रगताची
नात्याक मायेची ओलसाण
हे नात्याचे पास कसले आसतात काय?
केन्ना खोलाय दर्याची, केन्ना मळबांची उंचाय.

❒

२४. दुकांचीं पोंवळीं

म्हज्या दुकांचीं पोंवळीं
एक - एक गुंथून
माळ केली
हड्डयार मिरोवपी
माळेक पळोवन
जण एकलो म्हण्टा
वा! कितली सुंदर माळ

❐

२५. रंभा वसुंधरा

हीं रंभा वसुंधरा
शिंरगारल्या सुंदरा
हिच्या दर्या मनांत
ल्हारां उबारार
पाचवो साज
हांसत्या हिच्या
वझऱ्या ओठांत
विश्व-मित्र घुस्पला
ही रंभा वसुंधरा

❐

२६. दसरो

आयज दसरो म्हजे जिणेचो
हांव आपटया पान रे
लूट लूट भरभरून
भांगरा ही खाण रे

आयज सोडटा देवळामठी
तूं भक्त हांव येतां भेटी
तरंगां तालार नाचत घुमत
म्हजी व्होटी तूं भर रे

देह पालखी शिंरगारल्या
शेनाय वाजता शिरंतरां
मोगाच्या घुमटा तालार
म्हजो प्रसाद तूं घे रे

❐

२७. नकेत्रां

हो तो तुजो आजो
नकेत्रांकडेन दाखोवन बोट
आजी म्हाका सांगताली
एक दीस ती नकेत्र जाली.
हो तो आमचो आजो
ही ती आमची आजी
नकेत्रांकडेन दाखोवन बोट
हांव म्हज्या माणकुल्या
भयणींक सांगतालें
एक दीस तिंवूय
नकेत्रांच जालीं
आनी हांव मात
ह्या नकेत्रांनी म्हज्या मनशांक
सोदीत उरलां, सोदीत उरलां.

❑

२८. धर्तर

शिर्वाणाचे मदमस्त वेंगेत
ती ल्हवूच विसांवली
ही धर्तर चिंब ओली
रतिगंधांत सुखावली

हो वारो मदान्त मस्तो
तिच्या झाडां - पेडांक किरमिता
मळब जोगलायत मारता दोळो
तिचीं शिरंतरां पेट्टात

रिमझिम चुमीत वरूण तिचे
ओंठ करता ओले
शिर्वाणाचे मोगा धारेन
तिचे न्हंय - वझरे न्हाले

❐

२९. म्हजे धुवे - तीन कविता

१. तुज्या किलकाऱ्यांनी घर म्हजें
भरूंदी गो बाये,
धुवे म्हजे निलांबरी.

डॅडीन हाडल्यांत कितलीं खेळणी
घरभर धवळून उडय
दिमकुऱ्यांनी धांवत येवन
पायांक म्हजे वेंगय
म्हजे मांडयेर बसून
मस्ती करून
घर म्हजें जागय,
धुवें म्हजे निलांबरी.

तुजेर आयलां कसलें सावट
देवूच निवारतलो
सांग गो म्हाका आई म्हणून
मारतलें केन्ना उलो?
तुजीं उतरां आयकूंक
जीव पिसो
आशेता गो बाये,
धुवे म्हजे निलांबरी.

२. म्हजी धूव म्हजें शिल्प
म्हजें हें शिल्प म्हजे कल्पनेची रचणाय,
म्हजें हें शिल्प म्हज्या रगताघामाची शिंपणाय,
म्हजें हें शिल्प म्हजे सृजनाचें प्रतिक
म्हजें हें शिल्प बावनकशी सौंदयाची मूर्त
म्हजें हें शिल्प म्हज्या हेर रचनांची स्फूर्त,
ताचे सुंदरतायेंत जो तो शेणटा

पूण हालींसरा
म्हज्या शिल्पाक सोंसना हो शिंयां-गिमाचो खेळ
म्हज्या शिल्पाचे राखणेक पावना म्हाका वेळ
आनी शिल्प आंगा आंगान कोसळटा.
म्हज्या शिल्पाची ही अस्थिपंजरी जीण
लागीं लागीं येवपी ताचो होमखीण
म्हज्यांतले आवयक पिळवट्टा
आनी शिल्पासांगाताक दुकां विरयत
मोन्यांनी म्हजें काळीजूय
तुटूतुटू तुटट्टा, घुस्मटून रडटा

३. तुका कशें कळचें म्हज्या काळजाचें
खिणाखिणाक लासप
म्हाका जाय तूं, तुजें तें भाबडें हांसप
पूण तुजो देह आनी त्यो यातना
तुज्या तोंडार हांसो, पूण दोळयांत उदेल्ल्यो वेदना
तुजी मूक तडफड
मागीर हांव मुक्ती मागतां
कसलेय वेदनेविरयत तुजी मुक्ती
हांव आदिशक्ती, हांव माता
कसलो हक्क म्हाका मिरोवंक
हीं आवयपणाचीं फितां?
हांवेंच केल्लीं तुका
ह्या जगाचीं दारां उक्तीं
आनी हांवूच मागतां
तुजी वेदनेविरयत मुक्ती.

❒

३०. जाणां आई?

जाणां आई?
तूं कामाक वतना
म्हाका भितर दवरून
दार बंद करून वता खरी
पूण हांव जाणां
तुज्या काळजाचीं दारां-जनेलां
उक्तींच आसतात
तूं जंय आसता थंयसावन
खिणाखिणाक जनेलांतल्यान
दारांतल्यान म्हाका
तेळीत आसता
म्हजेखातीर हुस्केत आसता
पोर म्हजें बाबागाडयेन
अशें बांदून उरिल्लेवरी
कितलो वेळ हालनासतना
धोलनासतना उरतलें?
तानेलें काय पोर?
रडटा काय पोर?
भुकेलें काय पोर?
आनी खरें सांगूं आई ?
तुज्या ह्या काळजाचे
हुलपावणेचो धग
म्हजेमेरेन पावता
आनी मागीर हांव
मोन्यांनी धुमसतां
आनी तूं येतांच
मागीर सगळीं दुकां
तुज्या पोशांत रकयतां
तुज्या काळजाक
मात पूण थंडसाण
मेळूंदी म्हूण

३१. मनीसपण वांचयात

ही भूंय एका काळार
पाचवीचार रुपगर्विता
आतां तिनसांजची परवड आयकुची
तशी आत्र्या-पयऱ्यान
'वाचयात - वांचयात' ची
आरड आयकता
आनी आयकतां - आयकतां
थकता, निर्शेता
आनी आपले भितरूच
हुंडके - हुंडकेता

एका काळार
तिणें केल्ली अपुरबाय
फुलोवपी फळोवपी
मनीस जातीची
आयज ती आयकता
रानां वांचयात
राना वांचयात चे साद
आनी कापिल्ल्या रानांतल्यान
आंग लिपयतां लिपयतां
पळयता रातीची वाट

एका काळार
मनशान केल्ली
उदरगत पळोवन
तिचें हड्डें आयिल्लें फुलून
आतां हांगा कत्तल
थंय बॉम्बस्फोट
धान्य वांचयात
पेत्रोल वांचयात

मनीस जाला दुकळग्रस्त
ताची जीण वांचयात
आयकून आयकून
तिचे कान गेल्यात किटून
वराहरुपी विष्णू
देवळांनी जाला बंद
आनी धर्माच्या नांवान
चल्ला सगल्याक बंड
आतां आयकूंक येता
किंवाट्याचो गजर
देव वांचयात, धर्म वांचयात
वांचयात गांव, प्रांत वांचयात
ह्या देसापसून
तो देस वांचयात
चल्ला रक्तखेव
मनशापसून मनशाक वांचयात

भुंयेक आतां जायना सहन
आनी भूंय कांपता
वांचयात वांचयात चो
आकांत आयकून
तिकाय हुलोप पेट्टा
आनी आरे कोणीतरी
मनीसपण वांचयात
म्हूण ती आकांतान रडटा

❐

३२. माती - मळबाचो मोग

माती - मळबाचो मोग
सैमाक संभोग
आनी माती गर्भभारेल्ली तेन्ना
मळबाक हात जोडीत
मातयेन आपल्या गर्भाक
सद्‌गुणांचे वरदान मागलें

पाचव्याचार पोरांचे
घसघशीत जायवळ
आनी तांच्या राखणदारांचें
बुध्दीबळ पळोवन
माती गंधावली तेन्ना
मळबाक हात जोडीत
मातयेन
आपल्या गर्भपोरांसयत
तांच्या राखणदारांक
सदगुणांचें वरदान मागलें

मातयेच्याच चिखल वासाचे
मातयेच्याच स्पर्शाचे
हे राखणदार
मातयेवरीच दोनूय हात
मळबाक जोडीत
केन्नाच मातयेच्या हङ्ग्यार चडले
आनी मातयेपोरांचे पाचवेचार
जायवळ तासून
मातयेचें मळबाकडलें
नातें तोडलें.
मातयेन युगायुगाचो
चक्रव्यूह भेदलो

पूण बुदवंत राखण्यांचे
जयद्रत करणेचो
चक्रव्यूह भेदतना
ती अभिमन्यू

आतां हे राखणे
राकेसी अवसर खुदयतात
आनी माती ह्या बुध्दीबळांक
बरी बुद्ध दिवची म्हूण
बिटबिट्या दोळयांनी
पडल्या थंयसावन
मळबाक पराथता

❐

३३. कोणें पळयला व्हय?

कोणें पळयला व्हय?
आडे-पाडे चितनांची
तरसाद मानेर हुमकळावपी
दुर्धर आधी - व्याधींच्या
शरपंजरार तळमळपी
ते मनीस कुळयेच्या
चेऱ्यावयलें हास्य
मनकुडीचें स्वास्थ्य
कोणें पळयला व्हय?

कोणें पळयला व्हय
यंत्र - तंत्र जपत मंत्र
त्या तंत्रांत स्वताक शेणोवपी
सुवार्थाच्या वण्टींमदीं
आपलेंपण चिणोवपी
ते मनीसकुळयेच्या
मनकुरकाटाचें सूख
काळजा मायेची भूक
कोणें पळयल्या व्हय?

पळयला जाल्यार कळयात
मेळटा जाल्यार पळयात
चेऱ्यावयलें हास्य
आनी तनकुडीचें स्वास्थ
मागीर काळजा काळजाक
मायेमोगाची भास

❒

३४. शब्दवळख

ती अनवळखी शब्दवळख
आनी घडलो शब्दमेळ
शब्दांच्या सांगातान
कळ्ळो शब्दखेळ
काना - मात्रा आडी चिरीत
शब्द-शब्द शिंरगारले
शब्द यौवनाक
भावनेत छेडलें
आनी शब्दांचे पलतडचे
शब्दसूर गवसले.

❐

३५. नतमस्तक

म्हज्या पुर्वजनांनी बांदिल्ली
म्हजी ही देहमठी
तिणें देखल्यो
कितल्योच दीस-राती

कितलींच आयलीं
मोडां आसक्तीचीं
तरीय मठी थीर, तांक ह्या
बुनयादी पावलांची

मोडां उपरान्त प्राणदेह
सुन्न खीणभर
मस्तक कळसान बुध्दीबळार
ताका राखलो जीणभर

मठी पेलपी ते बुनयादीक
प्राणदेव राखपी गर्भकुडीक
बुद्धदैवताक तारपी कळसाक
म्हजे लाख लाख प्रणाम.

❐

३६. गर्व से कहो

‘गर्व से कहो हम हिंदू हैं।
हिंदू हांव, हिंदू हांव
हिंदू तूं जाल्यार नांव कितें?
नांव कितें, अडनांव कितें?
गोत्र कसलें आनी कूळ कितें?
आडवो - उबो भेद कितें?
कात कसली आनी जात कितें?
जातींतली पोटजात कितें?
पोट जातींत शीम मेर कितें?
पयली तूं बामण - वाणी
क्षत्रिय, सुदीर
मागीर चड तूं हिंदू वेदीर
आनी बोंबले देठांतल्यान
आड्डय मागीर
‘गर्व से कहो हम हिंदू हैं।’

❐

३७. खीण

पोन्नो खीण खिणभरयांत
जालो खिणयाळो
नव्या खिणाक, त्याच खिणाक
फुटलो पळय ताळो

वतां-वतां पोन्नो खीण
मोनेळ पांगुरता
नव्या खिणाक नव्यो आंकऱ्यो
खिणाखिणाक फुट्टात

पोन्ने खीण कांय अशे
काळीज गेले कोरून
खिणाखिणाक याद तांची
जात पळय अजून
नव्या खिणाक पोन्ने खीण
अजून मेळटे जुळटे
खीण तेच शब्द नवे
संदर्भ बदलता निखटे.

❐

३८. घर

१. एक घर
ताच्यो वण्टी चार
वण्टीं भितर जें घडटा तें
वचना केन्ना वण्टीभायर
ह्यो वण्टी गांधीजीचीं माकडां
तांणी दोळे - कान - तोंड धांपलां

२. घर -घराक
मोगाचे पांखे
विश्वासाच्यो वण्टी
आनी मुखेलदार खांपें
मागीर कळी-काळाचे भिरकेंत
वोत-पावसाचे शिरकेंत
नकळटना
वण्टी वळपेतात, रांपतात
झडटात खवळयो, वेरेतात
खांची - कोनशांनी
पाखेंय उसवता
तरीय
घर घट्ट रोवून पांय
नात्या वासाचे मातयेंत

३९. 'तूं'

हालींसरा तुजें अशें ज्युस्तूच येवप,
हांव बसतना जेवंक आनी,
म्हज्या वाट्यातलें तुका दिल्लें,
अचळय व्हरून कुटूकुटू खावप.
आनी तुजे अशें ज्युस्तूच येवप
तेन्नाय
जेन्ना पयस मळबांत शेणील्ल्या
म्हज्याच मनशांच्या यादींनी
काळजाक वचून उस्तुरे
जीव घुस्मटकच.
हो निखटो योगायोग?
मागीर तूं येताच जनेलार
म्हाका कित्याक दिसता
म्हजे फाटीर भोंवतासो
मायेचो हात?
दिकादिकांतल्यान घुमतासो
माये मनशांचो साद?
तूं येताच जनेलार
काळीज म्हजें कित्याक हांबेता
दोळे अशे कित्याक पानेतात?
कोण तूं म्हजो?
कितें तुजें म्हजें नातें?
म्हका कळना
तरीय
ज्युस्त त्या त्या वेळार
तुकाच आशेता
मन म्हजें पिशें
सांग तुका हांव
कावळो म्हणूं कशें?

❐

४०. आंगणांतले सोबीत रांगोळेर

आंगणांतले
सोबीत रांगोळेर
कोणेंतरी दिवन पांय
फाफसून उडयतकच
दोळे पावशेतात

ही रांगोळी तर
काळजांतल्या
सोबीत सपनांचें प्रतिबिंब
मागीर दोनूयकडेन उरतात
फकत दुखावल्ल्यो मांवो!

❐

४१. नकेत्र तुट्टना

आनी
मळबांतलें नकेत्र तुट्टना
असंख्य हात जुळटात
आनी मागतात
आपल्या इत्सांच्या
पुर्ततेचें दान
पूण नकेत्र मात
मातयेभरवण
हांच्याच पांयांपोंदा

❐

४२. पोंवळीं

१. जोतिशान म्हळें,
'मन म्हजें मळबा इतलें व्हड.'
मनूच मळब
जाल्यार हांव केदें तर?

२ म्हाका अवडटा
लख्ख उजवाड वाटपी दीस
म्हज्या सांगाताक सावळीय
फाटी फुडें नाचून
दाखयता म्हजें अस्तित्व.
म्हजें अस्तित्व
म्हज्यांतूच चिणोवपी रात
म्हाका निखलूस आवडना

३. केन्ना तरी निखळटले
जातले तेन्ना फातर
आसता सगल्या नकेत्रांक खबर
पूण फुडाराच्या हुस्क्यान
नकेत्रांचें लिकलिकप खंय थांबता?

४. तिनसांज
न्हिवता सगली मनाची हुनसाण
आनी काळजा कुरकुटांत
गुप्प भरून रितें रितेंपण

५. काळश्या कुपांनी भरशिल्लें मळब
खोळसां फुटून रडटा
आनी सांगाताक ताच्या दर्याक
उचांबळून ल्हारां फुट्टात

६. उजवाडाच्या उश्ण्या दानान
चंद्रीम जगाक फटयता
आनी उमाशेच्या काळखांत
तोंड लिपयता

७. काळोख बिण्ण
जीण किण्ण
ती हन - न्हयशी आशेची
वात पेट्टी
त्या पयसुल्ल्या दोंगरार
तरीय काळजाक
धगाची आस दोट्टी

८. उतरां मनशावरी
केन्ना केन्नाय
कळटां नकळटां काळजाक
खोस दिवन वतात
केन्ना केन्नाय
आपलेंपण दाखयत
काळीज तोडटात
केन्ना केन्ना व्हळटा
केन्ना केन्ना कांटो कसो
काळजाक सलता

९. पावस रिमझिमता मनाच्या तळयांत
आनी मोग पमळटा
मोगिकेच्या दोळयांत

१०. मोग खरोच कुड्डो
म्हूण तर गर्दे गिचमुंडेंत
पाखां फुलयता
जड्डोय

११. धापिल्ली मूठ आनी
धांपिल्ले ओठ
सवाय लाखांचे
धांपाधापींत
मन पिता
घोंट विखाचे

१२. तुज्या भरवंशार
सात पावलां
तुज्या हुस्क्यान
शत पावलां
भरवंशा परस हुस्क्यांचीं
पावलां चड जड जाल्यांत.

❐

४३. फास्की

उक्त्या मळबाक
दिको धाय
रित्या मनाक
फास्की जाय

❐

४४. आवय

आवय एक कयपंजी
उजवाडायता भुरग्यांची जीण,
आपल्या रगत तेलान.
अरख्या सुर्याच्या हावेसान
भुरगीं मात मोलायतात तिका
मेणवातीच्या मोलान

❒

४५. तूं कवनां

१ पोन्नें तें भांगर
तूं सदांत म्हण्टा
मागीर हांव पोन्नें मॉडेल जालां
म्हूण कित्याक शिणटा?

२. हालीं उतरा - उतरांनी
तूं म्हज्या दोळयांतल्यान
पावस झडयतात
आनी म्हण्टा
चाळिशी आयली?
दोळे तपासून घे

३. हीं कुपां तुजेवयल्या
रागान भरल्यांत
तितलें तू जाणां
पूण तुजेर मोगान झडल्यात
तें तुका खंय खबर?

४. घोव आनी बायल
संवसार रथाचीं दोन चाकां
तरींय तूं म्हण्टा म्हाका
तुजीं चड शोपातां नाका

५ भुरग्यांनी केल्यार नांव
तूं म्हण्टा मागीर
बापूय कोणतर - हांव
भुरग्यांनी केल्यार कितेंय पाड
तूं म्हणटा, हीं भुरगीं मरे
आवयभशेन नाड

६. तुजे डायरेर म्हजे खातीर
इल्लीय सुवात ना
हें कितले फावटीं सांगत ?
हांव सोपतलें ती तारीक
सर्टिफिकेटी खातीर तरी
म्हज्या नांवांसयत
तुजे डायरेर बरयतलें.

❐

४६. आटक - माटक

आटक माटक चंवळी चटक
चंवळी जाली व्हड
संवसार भाणांत शिजली चंवळी
मानून सगळें गोड

गर्भसुवाळे चंवळेचे
पूण गर्भांत चंवळयांचीच रड
घरच्या सोयऱ्यान हुमटिले तांकां
चंवळे काळीज जालें जड

चंवळी बाबडी रडली ना
आंगश्यो पांगश्यो भिजल्यो ना
काळीज तुटून चंवळी फुटली
चंवळेन दुकां जोखलीं ना

चंवळे, चंवळे, उठ उठ
वनांत दुकां कूट कूट
घरच्या सोयऱ्यांक झोडझोड
तांच्या जिबांक येवंदी फोडफोड
घरचो सोयरो उठचो ना
चंवळयांक तुज्या तोडचो ना.

❐

४७. काळीज कवन

घुस्मटी तिनसांजचें
हें काळीज
टच्च फुलारून आयिल्लें
कुचकुचीत फुगिल्लो फोडशें
कसलीय याद तोपतांच
सर्र फुटून गळटा

❐

४८. तुजे नदरेचीं कवनां

१. हांवें जपलां
तुजे नदरेचें पिंपळपान
म्हज्या काळजाच्या कार्देनार

२. तुजे नदरेचो काजुलो पिकपिकता
आनी म्हज्या झाडभर नकेत्रां
लिक्क लिकलिकता

३. तुजे नदरेचो भालो
आनी म्हज्या रंध्रांत
गोपाळकालो

४. तुजे नदरेचो आंगभर
घुंवघुंवता भोंवर
आनी पानगळाक आयिल्ल्या
काळजाक म्हज्या
अकस्मात फुट्टा चंवर

❒

४९. म्हज्या भुरग्यांनो

म्हज्या भुरग्यांनो,
तुमच्या हांशाचो खळखळपी वझरो
कोणाच्योय ताका लागूं नये म्हूण नदरो
'टच वूड' म्हणत कानसुलार
बोटां मारतात कडकड दिमयो

म्हज्या भुरग्यांनो,
हे नेटान कांटे घुंवडावपी वसवसो काळ
आनी काळीज फाळपी घडणुकांचे फाळ
जिणे सुपांत भरसतात दुःखाचे फातर आंशे
तरीय तशेंच उरचें तुमच्या तोंडावेलें हाशें

❐

५०.पावस

तो कृष्ण काळो खुणायता
प्रिये राधे धर्तरेक
पानापानांतल्यान वेणूचे सूर
तो जागयता रे प्रीत

तोणयांमेळा गडगडान
तो रचता रासलिलो
नदरेचें जोगलायत जोगूल
तो मोडटा प्रियेक दोळो

तो उधळी पावस रंग
आनी प्रिया चिप्प ओली
दोगांय जालीं एकजीव
आनी सृश्ट नवी फुल्ली.

❐

५१. एक गायड उलयता

येयात, पळयात
हों बोडको दोंगराचो खड्डो
जसो मिलाचो सुळसुळीत गड्डो

एका काळार हाच्या माथ्यार भरिल्ल्यो
पानकेसांच्यो कुचकुचीत वृक्षजटयो
आनी माथेंभर सुकण्यां-सावदांचो सुळसूळ.

आमच्या जाण्टेल्यांनी पितारिल्लीं
हीं तांच्या रंगरुपांचीं चित्रां पळयात

तुमी निदान पळयतात हांगा उत्के बोडके दोंगर
तुमच्या नातरां - पणटुरांक हांगा दिसतले
विटां-फातरांनी चिणवल्लें नगर.

तेन्ना म्युझियमांत दवरिल्लीं
जाण्टेल्यांनी पितारिल्लीं
बोडक्या रानांची चित्रां
दोखावंक मात विसरूं नाकात.

❒

५२. कविता

म्हाका इल्लोसो वेळ दिवंक
वेळाक वेळूच नासता
तो धांवता आकांत वेगान
भविश्यांतल्या प्रस्नांच्या सोदांत
आनी हांव मात हुमकळटां
ताणें मोखून मारिल्ल्या प्रस्नाचिन्हाक
जाप सोदपाक इल्ल्याशा वेळाची
भीक मागीत.

❐

५३. आवय

आवय?
खबर ना म्हाका आवयचें कूळ
आनी बापायचेंय मूळ

हांव जाणां एकूच
म्हाका खिळायला तो
अनाथांचो सूर.

तशे म्हाका म्हज्या गर्भवासाचे दीस
हयन्हयशे याद आसात
ते दीस म्हजेखातीर
काळखी उमाशी रात आसा.

हय, म्हाका याद आसा
नदर झिळमिळटना दिशिल्ली
जल्ल्याची मिशी
आनी भुकेपोटार चिंविल्ली
घडये बोतरांची दशी.

आतां म्हज्या दोळयांत
उजवाड फुटला
नदरेनूच कोनशान कोनशे
उस्तीत सुटलां.

जावं कसो तरी वाडलों
आनी कापूस कसो हुबलो हांव
पोट भरता थंय रिगलों
तोच जालो म्हजो गांव.

तरीय पुरूंक नाशिल्ले म्हजे वारीचो
अजूनय म्हाका वास आसा.
काळजा कोनशाक दामिल्ली
आवयची एक आस आसा.

म्हूण एका खिणाखातीर
तूं म्हजी आवय जाशीत?
केन्नाच मेळुंनाशिल्ली आवयची
इल्लीशी माया म्हाका दिशीत?

मागता फकत एकूच खीण
फकत एकूच खीण
एक आल्लय, मातशी मांडी,
फाटीर हात, एक उंडी
मागतां फकत एकूच खीण
आवय, आवयची माया
कोणीतरी आसा व्हय?

❐

५४ .यो रे पुता यो

ह्या घराचे बरगेल्यात वांशे
सुलच्या नळयांचे देवलां पाखें
घराचें राखूंक घरपण यो रे पुता यो
त्या निबान तुका पळयतां यो रे पुता यो

ह्या कानाप्याचेर उशाक तुज्या सदां म्हजी मांडी
आयकतालो राजा-भुता-खेताची काणी.
जाग्यावयल्याक सूर-रोंट दिवंक यो रे पुता यो
त्या निबान तुका पळयतां यो रे पुता यो

ह्या आंगणांत रंगतालो कोयणे बाला खेळ
माड-माडयांनी खेळटालो आको-माको-तेल
तुळशीची पणटी पेटोवंक यो रे पुता यो.
त्या निबान तुका पळयतां यो रे पुता यो.

दारादारांत रंगतलो आतां शिगम्याखेळ
धोल ताशे वाजतले येतलो रोमटां मेळ
शिगम्या तळी दिवंक तूं यो रे पुता यो
त्या निबान तुका पळयतां यो रे पुता यो

कुलदैवत तुजें सांतेरी हे सांतेरीची जात्रा
जात्रेक घेवन यो रे म्हज्या अपुरबायेच्या नातरां
कुलदेवतेचो कौल घेवंक यो रे पुता यो
त्या निबान तुका पळयतां यो रे पुता यो

लामणदिवो पेटयतां देवा गर्भकुडीं
प्रसादाक मागतां रे तुका उजवी कळी
मूळपुरसाक पेटोवंक वात तूं यो रे पुता यो
त्या निबान तुका पळयतां यो रे पुता यो

पयस सादयता फांत्यापारार सर्गलोकीं कोंबो
जीव तरासता तुज्या हातचो पिवंक उदका थेंबो
वतना म्हाका खांद दिवंक यो रे पुता यो
त्या निबान तुका पळयतां यो रे पुता यो

५५.पेट्टो गीम

हे प्रिये अवनी
हुपून ही मीर्ग-शिशीर
आयलां हांव तुजेखातीर
क्षितिजाची मोडून फास्की
मेळचीं आमी दीस राती.

हे सुंदरे, वसुंधरे
दिग्ग दोन ऋतू आकुळ-पिकूळत
हांवे काळजांत मोग जपला
आनी प्रिये देखतांच तुका
तो आंगापांगान फुटला

हे रंभे, पृथ्वीअंबे
पळय म्हज्या श्वासाची
तुज्या उस्वासाची धग
हो परिसरूय हुलपून
पेट्टा भगभग

हे रती, धर्तरी
पेट्टना ह्यो मोगावाती
जोडटना काळजांनातीं
यो वेंगेंत हुलपूंक
मीर्ग दुस्मान येवचें आदीं.

❐

५६ .गीम

माथ्यार तांबसो फुलांपदर
एक व्हंकल लजता
यो रे गिमा, यो रे तुका
गुलमोहोर रावता.

गुलमोहोराचो तूं गिमा
सपनांतलो मनकुंवर
तुजे स्पर्श-धगीन फुल्ला
ताचेर फुलां चंवर
तुज्या येण्यान गिमा हांगा
नवल अशें घडटा
यो रे गिमा, यो रे तुका
गुलमोहोर रावता.

गिमा, सगलो दिगंत असो
तुज्या उज्यान पेटला
गुलमोहोर मात तुज्या
मोगा फुलान नटला
तुज्या येण्यान गिमा, हांगा
नवल अशें घडला
यो रे गिमा, यो रे तुका
गुलमोहोर रावता.

❐

नांव : **नयना नंदकिशोर आडारकार**

जल्मतारीक : २८ जुलय १९५९

शिक्षण : बी.कॉम्. मेरेन.

महाराष्ट्र राष्ट्रभाषा सभेची हिंदींतल्यान 'पंडित' पदविका.

बरपावळ : 'प्रतिमा' काव्यझेलो.

'रानांतल्यो काणयो', 'हिरन आनी वांस्वेल', 'पिटकुल्यो काणयो' हीं भुरग्यांखातीर पुस्तकां.

कविता, कथा, काणयो दिसाळीं, म्हयनाळीं आनी वर्सुकी आंकानी बरयता.

'सुनापरान्त' दिसाळयांत 'पारजत' नेमान बरयता.

आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाचेर कविता, नाटकुलीं, मुलाखतींच्यो कार्यावळी सादर केल्यात.

आकाशवाणी दिल्ली आयोजित भोपाळ हांगा जाल्ल्या सर्वभाशा कवीसंमेलनात कोंकणीचें प्रतिनिधीत्व.

'त्रिवेणी' ह्या तीन कवयित्रीं कडल्यान सादर जावपी काव्य-सादरीकरणाचे कार्यावळींतली एक कवयित्री.

गोवा कोंकणी अकादेमीचे साधारण सभेची आदलीं वांगडी.

कोंकणी भाशा मंडळाचे वावुरपी समितीची वांगडी.

कों.भा.मंडळाचे 'वाचक सल्लागार समिती' चीं अध्यक्षा.

ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन,
श्रीस्थळ, काणकोण, गोंय - ४०३ ७०२
फोन : २६४४३३४